# गोंय नितळ आनी सोबित दवरात-श्री. गुदिन्हो

ता. 7 फेब्रूवारी 2018

18 माघ 1939

गोंय हे नितळ आनी पुराय विकसीत राज्य करपाचे सरकारचे सपन आसून ते पूर्ण करपाखातीर गोंयच्या लोकांचो सहभाग आनी सहकार्य म्हत्वाचे आसा. गोंय हे पर्यटन स्थळ म्हूण जगभर फामाद आसा, ते खातीर गोंय नितळ आनी सोबित दवरपाचेर आमी भर दिवपाची गरज आसा, अशें पंचायतमंत्री श्री. माविन गुदिन्हो हांणी आयज ताळगांवा पंचायत सभाघरात आयोजीत ग्राम पंचायत आनी जिल्हो पंचायत वांगड्यांच्या मेळाव्यात उलयताना सांगले.

पंचायत संचालनालयान गोंय लोकप्रशासन आनी ग्रामीण विकास संस्थेच्या सहकार्यान आयोजीत मेळाव्यात फुडें उलयताना श्री. गुदिन्हो हाणी थळाव्या संस्थांच्या प्रतिनिधीक आपल्या गावच्या आनी राज्याच्या विकासाचो दृश्टीकोन नदरेमुखार दवरून योग्य आनी उपयुक्त विकास प्रस्ताव सरकारामूखार मांडपाक सांगले. लोकउपयोगी विकास प्रकल्पाखातीर सरकार निधी कमी पडपाक दिवचो ना. आयज थळावे लोकप्रतिनिधी आपल्या वाठारातल्या लोकांच्यो गरजो बरे तरेन समजून घेवपाक शकतात आनी तशें प्रस्ताव सरकाराक सादर करपाक पात्र आसात, अशेंय तांणी सांगले.

ग्राम पंचायतीक पूर्णवेळ सचिव उपलब्ध करपाविशी सरकार गंभीर आसून ते खातीर सरकार रोखडोच निर्णय घेतलो. ह्या मेळाव्यातल्यान जावपी मार्गदर्शनाचो योग्य फायदो घेवन थळाव्या प्रतिनिधीनी आपल्या गावचो विकास करपाकडेन लक्ष दिवचे, अशेंय पंचायतमंत्र्यान सांगले.

गोंय लोकप्रशासन आनी ग्रामीण विकास संस्थेचे संचालक श्री. सॅम्यूयल मॅथ्यूव्ह हांणी ह्या वेळार उलयताना थळाव्या संस्थाच्या प्रतिनिधीनी आपल्या गांवच्यो गरजो विचारात घेवन विकास कामाचे नियोजन करचे, अशें सांगले.

दक्षिण गोंय जिल्होपंचायत उपाध्यक्षा श्रीमती चित्रा फडते, उत्तर गोंय जिल्होपंचायत उपाध्यक्ष श्री. वासूदेव कोरगांवकर, ताळगांव पंचायतीचे सरपंच श्री. जानू रूझारियो आनी हेर पंचायतीचे सरपंच, पंच मेळाव्याक हजर आशिल्ले.

पंचायत संचालक श्रीमती संध्या कामत हांणी उपस्थितांक येवकार दिलो.